**नॅशनल सॉफ्टबॉल चॅम्पियन सर्तीत बायलां गटात महाराष्ट्र जाल्यार दादल्यां गटात छत्तीसगड पंगडाक जैत**

ता. 3 मे 2023

गोंय सॉफ्टबॉल संघटनेन गोंय खेळां प्राधिकरणाच्या जोड पालवान आनी भारतीय सॉफ्टबॉल असोसिएशन आनी खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या आदारान कांपाल हांगाच्या साग मैदानाचेर आयोजीत 13 व्या फॅडरेशन कप नॅशनल सॉफ्टबॉल चॅम्पियन सर्तीत बायलां गटात महाराष्ट्र पंगडान जाल्यार दादल्यां गटात छत्तीसगड पंगडान जैत मेळयले. सर्तीत बायलां गटात दुसरी सुवात पंजाब जाल्यार तिसरी सुवात केरळ पंगडान मेळयली आनी दादल्यां गटात दुसरी सुवात महाराष्ट्र जाल्या तिसरी सुवात आंध्रप्रदेश पंगडान मेळयली.

सर्तीच्या समारोप आनी इनामां भेटोवपाच्या कार्यक्रमाक भारतीय सॉफ्टबॉल असोसिएशनाच्यो अध्यक्ष नितल नारंग ह्यो मुखेल सोयरी म्हूण हाजिर आशिल्ल्यो. ह्या वेळार उलयताना नारंग हांणी सर्तीतल्या जैतवंत पंगडांच्या सगळ्यां खेळगड्यांचे अभिनंदन करून गोंयांत जावपी राष्ट्रीय खेळा सर्तीत सॉफ्टबॉल खेळगडे उत्कृश्ट खेळ करतले, अशी आस्त उक्तायली.

गोंय खेळां प्राधिकरणाच्यो संचालक डॉ. गीता नागवेकर, गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष श्री. भागिरथ शेट्ये, भारतीय सॉफ्टबॉल असोसिएशनचे सरचिटणीस एल. आर. मौर्य, खजिनदार श्रीकांत थोरात आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या सर्तीत 11 राज्यांतल्यान 400 सर्तकांनी वाटो घेतिल्लो.

सुरवातीक गोंय सॉफ्टबॉल संघटनेचे अध्यक्ष श्री. धर्मा चोडणकर हांणी उपस्थित मानेस्तांक येवकार दिलो जाल्यार आयोजन समितीचे अध्यक्ष श्री. रूपेश ठाणेकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

रूपेश लिंगुडकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/361

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.